# राज्यपालांक वागांच्या मरणाची म्हायती दिली

ता. 14 जानेवारी 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुख्यसचिव श्री. परिमल राय, प्रधान मुख्य रानपाल आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांनी आयज राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांची भेट घेवन राज्यपालांक राज्यांत घडिल्ल्या वाग मरण घडणूकेची म्हायती करून दिली.

वागाच्या हल्ल्यात ज्या लोकांच्या पाळीव जनावरांचे लुकसाण जाला तांका मदत करपाचो निर्णय घेतिल्ल्याची म्हायती राज्यपालाक दिली. तशेंच रानटी जनावरांक लागून ज्या शेतकारांचे लुकसाण जाता तांका रोकड्या रोकडी मदत दिवपा खातीर उपाय केल्ल्याचेय राज्यपालांक सांगले. वाग आनी हेर रानटी जनावरांची राखण, रानटी जनावरां लोकवस्तीत येवची न्हय म्हुण केल्ले उपाय आनी हेर उपायांचेर ह्या वेळार चर्चा जाली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/45

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA